आकाशवाणी पणजीच्या

24.02.2025 @ 6.30 pm

‘मन की बात’ 180

कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या क्षेत्रात भारत वेगान एक मजबूत वळख निर्माण करता अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी म्हळा. आकाशवाणीचेर ‘मन की बात’ या त्यांच्या म्हयनाळ्या रेडिओ कार्यक्रमात तांणी म्हणले की, भारतातले लोक नवीन तंत्रज्ञानाचो अवलंब करपाक आणि प्रयत्न करपाक कोणाच्याच फाटी नात. हालीच जाल्या AI कृती शिखर परिषदे खातीर पॅरिसकल गेल्या भारताच्या भेटीवेळार या क्षेत्रातल्या भारताच्या प्रगतीचे जगान कौतुक केले हे पळोवन म्हाका आनंद जालो अशे त्यांनी सांगले. गेल्या महिन्यात इस्रोच्या 100व्या रॉकेटाचे प्रक्षेपण देशान पळयिल्याचो ताणी अभिमान व्यक्त केलो. अंतराळ शास्त्रज्ञांच्या टीमीत बायलांचो सहभाग सतत वाढत आशिल्याचे त्यांनी समाधानान नमूद केले. अंतराळ क्षेत्र तरुणांच्या पसंतीक आयिल्लेबद्दल त्यांनी आनंदय व्यक्त केलो. या महिन्याच्या २८ तारखेक राष्ट्रीय विज्ञान दिन मनयतले . प्रधानमंत्रान श्रोत्यांक ‘वैज्ञानिक म्हणून एक दिस’ पाळपाचे आणि संशोधन प्रयोगशाळा, तारांगण वा अवकाश केंद्राक भेट दिवपाचे आवाहन केले.प्रधानमंत्रानी जाहीर केले की बायलां दिसानिमित्त ते एका दिसा खातीर त्यांची सोशल मीडिया खाती वेगवेगळ्या क्षेत्रातल्या देशातल्या कांय निवडक प्रेरणादायी बायलांक सुपूर्द करतले. 8 मार्चाक ते आपले काम आणि अणभव लोकांसमोर मांडतले. जर बायलांक हाचो भाग जावुंक जाय तर ते नमो ॲपार तयार केल्या विशेष माचये वरवी सामील जावुंक शकतात आणि बायला दिसानिमित्त त्यांचो संदेश पुराय जगाकडे शेअर करपाची संधी मेळोवंक शकतात.

रिझर्व्ह बँक 125

लोकांमधदी आर्थिक जागरूकता वाढोवपाच्या उद्देशान रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान आज वार्षिक उपक्रम आर्थिक साक्षरता सप्ताह 2025 सुरू केला . या वर्सा,

“आर्थिक साक्षरता – बायलांची समृद्धी” या मथाळ्याखाला ही मोहीम 24 ते 28 फेब्रुवारी मजगती चलता. अरुणाचल प्रदेशात आरबीआय प्रादेशिक कार्यालय इटानगराचे महाव्यवस्थापक अभिषेक मुझुमदार हांणी आज इटानगरात या मोहिमेचो शुभारंभ केलो. यावेळार उलयताना मुझुमदार हांणी म्हणले की, या वर्साचे थीमीत बायलांक आर्थिक आणि सामाजिकदृष्ट्या सक्षम करपाचेर भर दिला. त्यांनी बँकर्सांक गिरायकां मेरेन पावपाक आणि त्यांका सरकार आणि बँकांनी प्रदान केल्ले सगळे डिजिटल वित्तीय आणि बँकिंग ॲप्स वापरपाक प्रोत्साहित करपाक सांगले. तशेच या प्लॅटफॉर्मचो वापर करताना धोके आणि खबरदारी याबाबत जागरूकता निर्माण करपाकय सांगले. मोहिमेचो एक भाग म्हणून, बँकांक त्यांच्या वेबसाइट्स, एटीएम, मोबाइल ॲप्लिकेशन्स आणि त्यांच्या फाट्यांनी डिस्प्ले बोर्डार RBI-विकसित पोस्टर्स प्रदर्शित करून जनजागृती करपाच्यो सूचना दिल्यात.

ग्लोबल इन्व्हेस्टर्स 140

भारताच्या इतिहासात पयलेच फावट पुराय जग भारताकडे आशेन पळयता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. भोपाळात आज ग्लोबल इन्व्हेस्टर्स समिटाक सुरवात करताना मोदी हांणी म्हणले की, भारता कडच्यान सर्वसामान्य लोक, अर्थतज्ज्ञ, संस्था आणि खुपशा देशांच्यो अपेक्षा आसात. जागतिक बँकेपासून ते जगातल्यो सगळ्यो प्रमुख संस्थां मेरेन भारत ही सगळ्यात वेगान वाढपी अर्थव्यवस्था आसा. देशावेल्या जगाच्या या विश्वासात लागुन राज्यांचोय आत्मविश्वास वाढला, अशे मोदी हांणी म्हणले. त्याचबरोबर दोट्टी इंजिन सरकाराक लागून विकासाचो वेगय वाढला. विकसित भारतात वस्त्रोद्योग, पर्यटन आणि तंत्रज्ञान हे तीन क्षेत्र सगळ्यात महत्त्वाचे आसात. सरकार या तिन्ही क्षेत्रांत फक्त पारंपारिक कौशल्यांकच चालना दिना तर कृषी वस्त्र, भू आणि वैद्यकीय वस्त्रोद्योग यासारख्या नवीन क्षेत्रांचेरय काम करता अशे ते उलयले. मध्य प्रदेशात गुंतवणूक करपाची ही सर्वोत्तम वेळ आसा कारण हे राज्य खनिज संसाधने तसेच मुळाव्या सुविधांच्या बाबतीत देशातल्या आघाडीच्या राज्यांपैकी एक आसा. विद्यार्थ्यांक परीक्षा केंद्रांर पावपाक उशीर जावचो न्हय म्हणून

प्रधानमंत्र्यनी ग्लोबल इन्व्हेस्टर्स समिटात येवपाक सुमार 15 मिनिटा उशीर केलो.

भलायकी' 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांनी सगळ्यां खातीर भलायकी' हो त्यांच्या सरकारच्या 'सबका 'साथ, सबका विकास' या संकल्पाचो मुखेल स्तंभ आशशल्याचे म्हणला. मध्य प्रदेशात छतरपूर जिल्हयातल्या बागेश्वर धाम वैजकीय आणि विज्ञान संशोधन संस्थेचो बुनयादी फातर घालतांना तांणी म्हणले की, ही संस्था वंचित कर्करोग रुग्णांक मोफत उपचार दितली. पयल्या टप्प्यात 100 खाटांची सुविधा आशिल्ले रुग्णालय तयार जातले, . कॅन्सर हॉस्पिटलांत अत्याधुनिक मशीन्स आणि तज्ज्ञ डॉक्टर्स आसतले अशेय मोदी हांणी म्हणले. आयुष्मान योजना आणि जनऔषधी केंद्रां सारख्या सरकारी येवजण्यांचो लाभ घेवपाचे आवाहनय तांणी केले.आमची मंदिरां पूजा केंद्रां वांगडाच विज्ञान आणि सामाजिक जाणिवेची केंद्राय आसात. आमच्या ऋषीमुनींनी आमका आयुर्वेद आणि योगाचे शास्त्र दिले, जे आज जगभरात प्रचलित आसा अशैय तांणी म्हळे

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी आठ वरा चाळीस मिनटांचेर. नमस्कार

-------------